17.02.2025 @ 7.20 pm

आकाशवाणी पणजीच्या

मुखेल खबरो

1. 14 वो डी. डी कोसंबी विचार महोत्सव 24 ते 28 फेब्रुवारी ह्या काळात पणजे जातलो अशी म्हायती कला आनी संस्कृती खात्याचे मंत्री गोविंद गावडे हांणी दिल्या.
2. वास्को ते सोलापुर वचपी रेल्वे सेवा सुरु करपाची मागणी आपणे लक्षवेधी सुचनेतल्यानसंसंदेच्या शियाळी अधिवेशनात केला अशी म्हायती राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी दिल्या
3. ब्रिटीश पर्यटक डॅनियली मॅकलॉग्लीन खून प्रकरणात दोषी थारिल्ल्या विकट भगत हाका आयज जल्मठेपेची ख्यास्त फर्मायली.
4. अंतरंग प्रोडक्शन संस्था आनी गोंय सरकारच्या म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्यान आयोजित दुसऱ्या ‘बुलबुल’ आंतरराष्ट्रीय बाल चित्रपट महोत्सवाक आयज सावन मडगाव सुरुवात जाली

--------------------

Rashmi 170

14 वो डी. डी कोसंबी विचार महोत्सव 24 ते 28 फेब्रुवारी ह्या काळात पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दिनानाथ मंगेशकार सभाघरात जातलो अशी म्हायती कला आनी संस्कृती खात्याचे मंत्री गोविंद गावडे हांणी दिल्या. 24 फेब्रेराक सांजेच्या साडेचार वराचेंर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी ह्या महोत्सवाचे उक्तावण जातले. ताच्या उपरांत साडेपाच-

सात  वरामेरेन गौर गोपाल दास ह्या फामाद प्रेरक वक्त्याचे “ नाते आनी जीण” ह्या विशयाचेंर उलोवप जातले अशी म्हायती मंत्री गोविंद गावडे हांणी दिल्या.जाल्यार 25 -28 फेब्रेराक ही व्याख्यायन माळ पाच वराचेंर सुरु जातली अशे तांणी कळीत केला. 25 फ्रब्रेराक अल्का सरोगी ह्या नामनेच्या हिंदी लेखिकेचे ..”आत्महत्या पासुन कशे वाचप “ ह्या विशयाचेंर उलोवप जातले. 26 फेरब्रेराक नामनेचे एडवेन्चर, तशेंच वेवसायिक आशिल्लया आदित्य गुप्ता हांचे “एवरेस्ट चडटाना अणभविल्लयो आनी जीणेत उपयोगी थारपी सात शिकवणी” ह्या विशयाचेर उलोवप जातले. 27 फेब्रेराक जीवन व्रती पद्मश्री निवेदिता भिडे हांचे “स्वामी विवेकानंद हांचो संदेश” ह्या विशयाचेर उलोवप जातलो. जाल्यार निमण दिसा म्हणल्यारुच 28 फॅब्रेराक नौदळाचे अधिकारी हांचे “जलसफरीतल्यान जगाची भोंवडी करतना ह्या विशयाचेंर उलोवप जातले अशी म्हायती मंत्री गोविंद गावडे हांणी पणजी घेतिल्लया पत्रकार परीशदेत दिल्या.

Rashmi 95

वास्को ते सोलापुर वचपी रेल्वे सेवा सुरु करपाची मागणी आपणे लक्षवेधी सुचनेतल्यानसंसंदेच्या शियाळी अधिवेशनात केला अशी म्हायती राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे हांणी दिल्या.

पंढरपुर, अक्कलकोट, तशेंच गाणगापुर वचपी गोंयच्या भाविकांक ही रेल्वे सेवा उपयोगी थारतली. ह्या पयली ही रेल्वे सेवा आशिल्ली मात 1990 उपरांत ती बंद जाली अशी म्हायती तांणी ह्यावेलार दिला. ते पणजे भाजप मुख्यालयात घेतिल्या पत्रकार परीसदेवेळार उलयताले. ह्या वेलार पक्षाचे फुडारी प्रेमानंद म्हांबरे हाजीर आशिल्ले. केंद्र सरकाराच्या अर्थसंकल्पात केल्या

तजवीजीखातीर  गोंयच्या नुस्ते पोसवण आनी नुस्तेमारी, उद्देग, शिक्षण, संशोधन, पर्यटन, बंदर तशेंच हेर  मळांक  फायदो जातलो आनी रोजगाराच्यो संदयो उपलब्ध जातल्यो अशे तांणी म्हणला.

Subhash/ Prasad 180

फ़र्मागुडयेर जावपी शिवाजी महाराजांच्या जयंती कार्यावळीच्या आदल्या सांजेर फोंडा नगरपालीकेची खासा कार्यावळ जातलीअशी म्हायती नगराध्यक्ष आनंद नायक हांणी दिली. शेतकी मंत्री रवी नाईक हांच्या येजमानके खाला ही कार्यावळ फाल्या सांजे ५.०० वरांचेर फोंडा बस स्टेंडार जातली. शिव राज्याभिषेकाक साडे तिनशें .वर्सां पुराय जाल्ल्यान फोंडा पालिकेन उत्सवी वातावरण तयार करपा खातीर ही कार्यावळ घडोवन हाडल्या. तिस्क उसगांवच्या शिव संस्कृति लंघाचे ढोल आनी ताशा वादन , सांजे ७ वरांचेर रसीकरंजन कोल्हापूर हाणी सादर केल्लो पोवाडा, ‘ गाणी शिवबांची’ ही संगीत कार्यावळ जातली. ह्या उत्सवाक शिव मोगींनी व्हडा संख्येन हाजीर रावचें अशें आवाहन फोंडा नगरपालिकेन केलां.

मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत .19 फेब्रुवारी 2025 दिसा फार्मागुडी, फोंडा हांगा छात्रपती शिवाजी महाराज जयंतीच्या निमतान आयोजित राज्य पांवड्यावेल्या कार्यावळींत सहभागी जावन शिवाजी महाराजांच्या पुतळयाक आर्गा ओपतले आनी ह्या छात्रपती शिवाजी महाराज जयंतीच्या निमतान राज्यभरांतय वेगवेगळे कार्यावळी जातल्योही वर्सुकी कार्यावळ म्हायती आनी प्रसिध्दी . .खात्यान घडोवन हाडल्यासकाळीं छत्रपती शिवाजी महाराजांच्या  पुतळयाक हार घालतलेह्या वेळार मुख्यमंत्री डॉ प्रमोद सावंत ., शेतकी मंत्री रवी नायक, डब्ल्यूआरडी मंत्री सुभाष शिरोडकर,कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे,वीज

मंत्री रामकृष्ण ढवलीकार, म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे सचीव, रमेश वर्मा (आयएएस), म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक दिपक बांडेकर, आणि हेर मानेस्त हाजिर आस्तले .

## Sushant 115

ब्रिटीश पर्यटक डॅनियली मॅकलॉग्लीन हिचेर लैंगिक अत्याचार करुन उपरांत तिचो खून करपाच्या आरोपाखाला दोषी थारिल्ल्या विकट भगत हाका आयज जल्मठेपेची ख्यास्त फर्मायली. दक्षिण गोंयच्यो अतिरिक्त सत्र न्यायाधीश क्षमा जोशी हांणी आयज सकाळी ही ख्यास्त फर्मायली. खून आनी लैंगिक अत्याचार केल्ल्याच्या दोनूय आराेपाखाला जल्मठेप जाल्यार पुरावे नश्ट करपाच्या आराेपाखाली तीन वर्सांची सक्त मजुरी अशी ख्यास्त अासा.

१४ मार्च २०१७ ह्या दिसा डॅनियली मॅकलॉग्लीन हिची कूड देवबाग - काणकोण हांगाच्या एका शेतात सापडिल्ली. तिचेर बळजबरी करुन उपरांत तिचो खून केल्ल्याचे उक्ते जाल्ले. या प्रकरणात ब्रिटीश दूतावासान लक्ष घाल्ल्यान हे प्रकरण पुराय संवसारात गाजिल्ले त्या खातीर आयच्या ह्या निकालाकडेन पुराय संवसाराचे लक्ष लागून उरिल्ले. ह्या खून प्रकरणाचा तपास काणकोणचे त्यावेळा वयले पोलीस निरीक्षक फिलोमेन कॉस्ता आनी राजन प्रभूदेसाय हांणी केल्ले.

## Sushant 100

अंतरंग प्रोडक्शन या संस्थेन गोंय सरकारच्या म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याच्या पालवान घडोवन हाडिल्ल्या दुसऱ्या 'बुलबुल' आंतरराष्ट्रीय बाल चित्रपट महोत्सवाक आयज सावन मडगावच्या रवीन्द्र भवनात सुरुवात जाली. कला आनी संस्कृती मंत्री गोविंद गावडे हांणी ह्या महोत्सवाचे उक्तावण केले. ह्यावेळार मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हे हाजीर आशिल्ले. पाच दिस हो

महोत्सव चालू असून आयज ह्या महोत्सवात मुक्काम पोस्ट बाबिलवाडी ह्या चित्रपटान महोत्सवाची सुरुवात जाली. एकूण ३२ देशांतले ६६ चित्रपट आनी लघुपट ह्या महोत्सवात दाखयतले. ह्या महोत्सवाक राज्यातल्या वेगवेगळया शारांतले विद्यार्थी भेट दितले अशी म्हायती आयाेजकांनी दिली. सध्या ह्या महाेत्सवाची कार्यावळ चालू आसा.

## Ganesh 260

शुल्क भरिनासतना वीज खात्याच्या खांब्यांक ब्रॉड बॅन्ड केबल बादिल्ले खातीर वीज खात्या वतीन वेगवेगळया कंपन्यांक अर्थीक दंड दिवपाची मोहीम चालूच आसा. आतां आनीक ६ कंपन्यांक दंड दिला. दरेकी ६० लाख ते ३ कोटी रुपयां मेरेन थकबाकी सयत दंडाची रक्कम भरपाची नोटीस जारी केल्या. ह्या पयलीं वीज खात्यान एके कंपनीक ३.४५ कोटी, जाल्यार ब्लीटझ ग्लोबल टेक्नोलॉजीजाक १.८० कोटींचो दंड दिल्लो. आतां फास्ट जेट टेलीकॉम (३ कोटी), डिजीटल नेटवर्क असोसिएशन (३ कोटी), ग्रीन फायबर (३ कोटी), सीटी नेट (६० लाख), एडजेकॉम टेलीकम्युनिकेशन्स (३ कोटी) आनी जीडीएन (९० लाख) ह्या कंपन्यांक दंड दिला. वीज खात्याच्या कार्यकारी अभियंत्यांनी हे विशींचो आदेश जारी केला.

वीज खांब्यांक केबल बांदपा खातीर वेगवेगळया कंपन्यां कडल्यान सुमार ५० कोटींची थकबाकी आसा. ह्या सगळया कंपन्यांकूय नोटीस जारी करतले, अशि म्हायती कार्यकारी अभियंते काशिनाथ शेट्ये हांणी दिली. ब्रॉड बँड तशेंच हेर केबल वीजेच्या खांब्यांक बांदून वेगवेगळया कंपन्यो तशेंच एजन्सी कडल्यानन इंटरनेट तशेंच पयसुल्ल्या व्हिडियोंची सेवा दितात. हाचें शुल्क भरूंक नाशिल्ले खातीर वीज खात्यान केबल तोडून उडोवपाची मोहीम सुरू केल्ली. २०२०-२१ ते २०२४-२५ ह्या पांच वर्सांचें शुल्क कंपन्यांनी भरूंक ना. टेलीकॉम धोरणा प्रमाण वीज खांब्यांक केबल बांदपा खातीर आशिल्ल्या शुल्काची थकबाकी भरप गरजेचें.वर्साक दरेका खांब्याक ३०० रूपया, हे प्रमाण ५ वर्सां खातीरचें शुल्क आनी लुकसाण भरपायेची रक्कम भरपाची नोटीस जारी

केल्या. कांय केबल ऑपरेटरवाल्यांनी केबल तोडपाचे गजाली आड उच्च न्यायालयांत याचिका दाखल केली. ही याचिकाय भायर मारली. उपरांत केबल ऑपरेटर संघटणा आनी वीज खात्याची बसका जाली. वीजमंत्री सुदिन ढवळीकार हांणीय उपाय काडपा खातीर बसका घेतली. नोटीस जारी जाले उपरांत दंड वसूल करपाची जापसालदारकी संबंदीत अभियंत्यांची आसतली. दंड वसूल जावंक ना जाल्यार सं ंबंदीत अभियंत्यांक दंड जारी करतले, अशें कार्यकारी अभियंतो काशिनाथ शेट्ये हांणी सांगलें.

RAJASHRI 80

चोपडे ते खिंड मोरजी मजगती आशिल्ल्या रस्तो डांबरीकरणाचो शुभारंभआमदार जीत आरोलकर हांच्या उपस्थितीत जालो. या कामार तीन कोटी रुपय खर्च करतले अशी माहिती आरोलकर हांणी या वेळार दिली. आगरवाडाचे सरपंच हेमंत चोपडेकर, मोरजीचे सरपंच पवन मोरजे, माजी सरपंच मुकेश गडेकर, आगरवाडाचे पंच सचिन राऊत, अँथनी फर्नांडिस, भगीरथ गावकर, दीपाली लिंगुडकर हेवेळार उपस्थित आशिल्ले . या रस्त्याचे हॉटमिक्स डांबरीकरण आणि रुंदीकरणाक नागरिकांनी सहकार्य करचे , असे आवाहन आरोलकर यांनी केले.तसेच नऊ कोटी रुपये खर्च करून चोपडे ते केरीमेरेनच्या रस्त्याच्या दोनिय वटांनी उदका वाहिनी घालतले आशिया म्हयीती तांणी दिली .

RAJASHRI 150

दिव्यांगांक स्वावलंबी करपाक राज्य सरकारच्या दिव्यांग खात्याकडच्यान वेगवेगळे उपक्रम राबोवपा वांगडा, योजना आणि सवलती दितात . त्याचा निश्चितच त्यांका सक्षम करपाक उपेग जाता अशे मत समाज कल्याणमंत्री सुभाष फळदेसाई यांनी व्यक्त केले. दिव्यांग खाते आणि दिव्यांग आयोगाच्यावतीन आणि गोवा माईल्स यांच्या जोड पाल वान हल्लीच धा

दिव्यांगक  ई-रिक्षाचे वाटप केले .ते वेळार   फळदेसाई उलयताले . यावेळी दिव्यांग आयोगाचे आयुक्त गुरुप्रसाद पावसकर, खात्याची संचालक वर्ष नाईक गोवा माईल्सचे उत्कर्ष दाबाळे हजर आशिल्ले.

**नमस्कार**